# प्रादेशिक खबरो

16.10.2025 7.20 pm

- म्हादय वाठार वाग संवर्दन वाठार जाहीर करपा खातीर सर्वोच्च न्यायालयाची उच्चाधिकार समिती आयज गोंयांत पावली.
- दक्षिण गोंयांत वेगवेगळ्या सुवातींनी शेणिल्ले एकूण ६७ मोबायल फोन पुलिसांनी सोदून काडल्यात. अशे दक्षिण गोंयचे पुलीस अधिक्षक टिकम सिंग वर्मा हांणी सांगला
- गोंय पुलीस खात्यावतीन ता. 21 ऑक्टोबराक पुलीस स्मृती दीस पाळतले
- विकसित भारत यंग लीडर्स डायलॉग क्विझ २०२६ ची निमाणी तारीख या महिन्याच्या 31 तारखे मेरेन वाडयल्या

Ganesh 90

म्हादय वाठार वाग संवर्दन वाठार जाहीर करपा खातीर सर्वोच्च न्यायालयाची उच्चाधिकार समिती आयज गोंयांत पावली. सरकारी अधिकारी तशेच लोकप्रतिनिधींकडे समितीच्या वांगड्यांनी चर्चा केली. ही समिती वाग वाठार जाहीर करपाविशी सर्वोच्च न्यायालयात अहवाल सादर करतली. राष्ट्रीय वाग संवर्धन प्राधिकरण (एन टी सी ए) च्या शिफारसी प्रमाण म्हादय आनी आडेकुशीकचो प्रदेश 'वाग वाठार'म्हणून जाहीर जाल्यार ताचे कसले परिणाम जातले? हे विशींच्यो समस्या, सुचवण्यो आनी हरकती तज्ज्ञां मुखार पांच मतदारसंघांतले लोकप्रतिनिधी आनी ग्रामस्थांनी मांडल्यो. सांवर्डें, वाळपय, काणकोण, सांगें आनी पर्ये ह्या पाच मतदारसंघांतल्या लोकप्रतिनिधी/ ग्रामस्थांच्यो समस्या तज्ज्ञ समितीण  आयकल्यो. समितीचे वांगडी चंद्रप्रकाश गोयल आनी सुनिल लिमये हे अहवाल सादर करतले.

सुशांत 100

15 sept ते 9 octo ह्या कालावधीत  दक्षिण गोंय पुलिसांनी घुवळी वखदां आड हातात घेतिल्ल्या मोहिमेत वट्ट १३ प्रकरणां गुन्याव म्हणून नोंद केल्यात. दक्षिण गोंयचे पुलीस अधिक्षक टिकम सिंग वर्मा हांणी ही म्हायती दिली. ह्या घुवळी वखदांचे एकूण मोल सुमार १५ लाख रुपया आसा आणि  तातूंत गांजा, एम डी एम ए आनी हायब्रिड गांजाचो आस्पाव आसा अशी म्हायती तांणी दिली.

दक्षिण गोंयांत वेगवेगळ्या सुवातींनी शेणिल्ले एकूण ६७ मोबायल फोन पुलिसांनी सोदून काडल्यात. हे फोन रोखडेच तांच्या मालकांक दितले अशें तांणी सांगलें. कोणालोय फोन शेणलो जाल्यार त्या मनशान सी ई आय आर या पोर्टराचेर बेगोबेग  संपर्क साधून आपली कागाळ नोंदवची असो उलो तांणी मारला.

DIP 170

गोंय पुलीस खात्यावतीन ता. 21 ऑक्टोबराक पुलीस स्मृती दीस पाळतले. पणजे पुलीस मुख्यालयाच्या मैदानाचेर  सकाळी  8.00 वरांचेर कार्यक्रम जातलो. ह्या  दिसा राष्ट्र आनी नागरीकांची सेवा करतना आपल्या जीवाची आहुती दिल्या पुलीस कर्मचाऱ्यांच्या उगडासाक आर्गां ओपतले. 21 ऑक्टोबराक  DCIO करम सिंग हांच्या फुडारपणा

खालच्या पुलीस दळाचेर सशस्त्र चीनी सैनिकानी आधुनिक शस्त्रांनी आनी हातबॉमान हल्लो केलो. पुण, फकत रायफलांनी सशस्त्र भारतीय पुलीस जवानांनी दुस्मानांचेर मात करी मेरेन आपली सुवात सोडली ना. ह्या हल्ल्यात 10 पुलीस जवानांक मरण आयले आनी 9 पुलीस जवानांक चीनी सैनिकांनी धरले.. ह्या शूर सैनिकांच्या बलिदानाबद्दल आर्गां ओपपा खातीर देशांत प्रत्येक जिल्हा मुख्यालयात पुलीस दळाची परेड जाता आनी देशाची सेवा करतना मरण येवपी पुलीस जवानांच्या उगडासाक दर वर्सा 21 ऑक्टोबर ह्या दिसा पुलीस स्मृती दिस म्हूण पाळपाचो निर्णय घेतलो.

गोंय पुलीस लेगीत गोंयच्या लोकांची निस्वार्थपणान सेवा करतात आनी अशी सेवा करतना तांणी आपलो जीव ओपिल्लो आसा. पुलीस स्मृती दिसा हेड कॉन्स्टेबल सर्गेस्त बलराम बी. शिंदे, पुलीस उपनिरीक्षक सर्गेस्त अभिषेक शेर-अली परवेज गोम्स, पुलीस कॉन्स्टेबल सर्गेस्त शैलेश के. गांवकर आनी पुलीस कॉन्स्टेबल सर्गेस्त विश्वास बी. देयकर हांच्या उगडासाक आर्गां ओपतले.

GST 40

सरकारान सुरू केल्यो वस्तू आणि सेवा कर सुधारणाक लागून २२ सप्टेंबर सावन गिरायकांच्या दिसपट्यां वापराच्या वेगवेगळ्या वस्तूं वेलो कर दर कमी जाले. या सुधारणांचो फायदो विमो गाडी घेवपाक आणि हेर कामाक कसो जाता ते विशी सांगतात धवलीचे अमेय देसाय byte

Sushant 60

मडगावच्या रवीन्द्र भवनातले पाय तियात्रिस्त हे मुखेल सभाघर ७ नोवेंबरासावन तियात्राखातीर उक्ते करतले. अशी म्हायती रवीन्द्र भवनचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हांणी दिली.पावसाचे उदक पाश्टात रिगिल्ल्यान रवीन्द्र भवनचे पाय तियात्रिस्त हे मुखेल सभाघर आनी ब्लॅक बॉक्स हांगाचे सिलिंग कोसळपाक लागिल्ले.. हे दुरुस्तीचे काम ३० ऑक्टोबरमेरेन पुराय जातले आनी ७ नोवेंबरासावन ही दोनूय सभाघरां पुराय ताकीन चालू जातली अशें तालक हांणी सांगलें.

सुभाष 70

गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळान फेब्रुवारी २०२६ बारावी परिक्षे खातीर अर्ज स्विकारपाची प्रक्रिया सुरू केल्या. बारावेची प्रात्यक्षिक परिक्षा ५ जानेवारी सावन सुरू जातली, जाल्यार लेखी परिक्षा 10 फेब्रुवारी सावन सुरू जातली, www.gbshse.net.in हे पोर्टल आता कार्यरत जालां. ह्या पोर्टला वरवीं फेब्रुवारी २०२६ बारावी परिक्षे शुल्क भरपाची निमणी तारीक १४ ऑक्टोबर २०२६ अशी आसा. हे तारखे उपरांत हें शुल्क अतिरिक्त शुल्का वांगडा 10 नोव्हेंबर मेरेन भरचें पडटलें. फेब्रुवारी २०२६ बारावी परिक्षा गोंयांतल्या २० केंद्रांतल्यान जातली.

सुशांत 70

काणकोण पालिकेचे नगराध्यक्ष म्हूण लक्ष्मण धर्मू पागी हे बिनविरोध वेंचून आयले. पागी हे काणकोणच्या पाळोळे प्रभागाचे नगरसेवक आसात. काणकोणचे उपजिल्होधिकारी प्रताप नायक गावकार हांणी ते वेंचून आयिल्ल्याचे जाहीर केले.

आदली नगराध्यक्ष सारा नायक देसाय हांणी आपल्या पदाचो राजिनामो दिल्ल्यान नवो नगराध्यक्ष वेंचून काडपाखातीर बसका आपयिल्ली. ह्या बसकेत सारा नायक देसाय हांचेसयत उपनगराध्यक्ष गंधेश मडगावकार, सायमन रिबेलो, रमा नायक गावकार, हेमंत नायक गावकार, नार्सिको फर्नांडिस, धीरज देसाय आनी नीतू देसाय हे हाजीर आसलें.

<u>प्रसाद 80</u>

डिजिटल सुरक्षेक चालना दिवपाच्या म्हत्वाच्या उपक्रमांत स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळाच्या वाणिज्य महाविद्यालयान, बोरी-फोंडा हांगा “सायबर सुरक्षा” ह्या विशयाचेर जागृताय सत्र घडोवन हाडलें. संगणक क्लब आनी म्हाविद्यालयाच्या एनएसएस युनिटान फोंडा पुलीस खात्याच्या जोडपालवान आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यावळीचो हेतू विद्यार्थ्यांक जबाबदार डिजिटल गरजेचें गिन्यान दिवपाचो आशिल्लो. सायबर गुन्यांवांच्या वाडट्या धोक्यांचेर हाजीर आशिल्ले संसाधन व्यक्ती पीएसआय बंसल नायक आनी पुलीस हवालदार लवू गावस  हांणी सत्रांत मार्गदर्शन केलें. तांणी विद्यार्थ्यांक फिशिंग, चोरी आनी सायबर गुनयावा  सारकिले प्रचलित ऑनलायन धोके कशे वळखुचे हाचेर शिक्षण दिलें;

<u>35</u>

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct  आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

<u>NSD 45</u>

युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान विकसित भारत यंग लीडर्स डायलॉग क्विझ २०२६ ची निमाणी तारीख या महिन्याच्या 31 तारखे मेरेन वाडयल्या. 20 लाखां परस चड तरणाट्यांनी माय  भारत पोर्टला वरवीं क्विझांत पयलींच वांटो घेतला अशें मंत्रालयान सांगलें. देशांतल्या तरणाट्यां कडल्यान मेळिल्लो सकारात्मक प्रतिसाद मतींत घेवन ही निमाणी तारीख वाडयल्या

<u>डेस्क 80</u>

केंद्रीय वेंचणूक आयोगान बिहार विधानसभेची भौशिक वेंचणूक 2025 संबंदी दूरदर्शन आनी आकाशवाणीचेर राष्ट्रीय आनी राज्यस्तरीय मान्यता प्राप्त राजकी पक्षांक प्रसारण आनी दूरचित्रवाणी प्रक्षेपण कालावधीचे वाटप करण्यासंदर्भात निर्देश लोक प्रतिनिधित्व कायदो, 1951 च्या कलम 39 अ खाला जारी केल्यात. आयटी प्लॅटफॉर्मा वरवीं बिहार विधानसभेचे वेंचणुके खातीर सगल्या राष्ट्रीय आनी राज्यस्तरीय राजकीय पक्षांना डिजिटल टा□म व्हाऊचर  जारी केल्यात आणि 45 मिनटांचो फुकट प्रसारण आनी दूरचित्रवाणी प्रसारणाचो वेळ दिला आनी पक्षांचे अधिकृत प्रतिनिधी आनी मुखेल वेंचणूक अधिकारी, बिहाराच्या कार्यालयांतल्या अधिकाऱ्यांच्या हाजिरेंत सोडत पद्धतीन आदींच थारायतले.

डेस्क 60

कुडचडेचें शणै गोंयबाब सेवा केंद्र संयोजीत स्मृतिनेष राजेंद्र चिमणू नायक यादस्तीक तिसरी अखिल गाँय कोंकणी कविता सर्त अंदू 9 नोव्हेंबरक  जातली. पिरायेचें बंधन ना युवा कवींक प्रोत्साहित करप ही सर्तीची मोख आसा. □त्सूक सर्तकांनी नांवां, नामो आनी संपर्क नंबर केंद्र सचिव, स्नेहल रामा नायक वा जोड सचिव दीपक आरोलकार हांचे लागी व्हॉट्सअॅप करून दीवची , अशें अध्यक्ष. मनोहर नायक हाणी  कळयलां.

Dip 50

एसकेएफ गोवा रिव्हर मॅरेथॉनची १५ वी आवृत्ती 14 डिसेंबराक चिकाली पंचायत मैदानाचेर जातली. वास्को स्पोर्ट्स क्लबान आयोजीत केल्ल्या ह्या सर्तींत भारत आनी परदेशांतल्यान सुमार 7500  धावपटू वांटो घेवपाची शक्यताय आसा. अंदूंचो विशय "पेस फॉर पीस" खेळां वरवीं सुसंवाद वाडयता. ह्या मॅरेथॉन सर्तींत पांच श्रेणी आसात  आनी वट्ट 8 लाख रुपया □नामां आसा.

50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३४.५  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २५.  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी गडगड आणि विजे सयत ह्ल्को ते मध्यम  प्रमाणात पावस पडू येता .वारे वराक 30  ते 40 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 50 किलोमीटर □तलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला